## लोकोत्सवात कला प्रदर्शनाचे आयोजन

## गोंयचे चित्रकांर आनी शिल्पकलाकारां कडल्यान  प्रवेशीकां मागयल्यात

ता. 9 जानेवारी  2025

कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन  पश्चिम विभाग सांस्कृतीक केंद्र,  उदयपूर हांच्या जोड पालवान दर्या संगम,  कला अकादमी,  कांपाल हांगा 17  ते 26  जानेवारी 2025 मेरेन  आयोजीत करपात येवपी  वर्सुकीं राष्ट्रीय लोकोत्सवात  गोंयच्या कलाकारांचे खास पेंटींग्स आनी शिल्पकला प्रदर्शन आयोजीत करपात येतले. गोंयचे नामनेचे लेखक सर्गेस्त रविंद्र केळेकर आनी सर्गेस्त मनोहर राय सरदेसाय हांच्या जल्म शताब्दी वर्सानिमतान आयोजीत करतले. राष्ट्रीय लोकोत्सवात  गोंयच्या कलाकारांक आपल्या कलेचे प्रदर्शन मांडपाची संद मेळटली.

ह्या कला प्रदर्शनात भाग घेवपा खातीर गोंयचे चित्रकांर आनी शिल्पकलाकारां कडल्यान  प्रवेशीका मागयल्यात. प्रवेशीका 13  आनी 14 जानेवारी 2025  मेरेन कला अकादमीच्या कार्यालयांत पावपाक जाय.  चित्रकांर आनी शिल्पकलाकारांनी आपले एक पेंटीग/शिल्पकला कलाकृतीच्या म्हायती सयत प्रवेशीके वांगडा सुपूर्द करपाक जाय. प्रवेशीका अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या कार्यालयांत उपलब्ध आसा. चड म्हायती खातीर 0832-2404630/2404606/600  ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/35

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.